Aakashwani Panaji

6.30 pm 25 feb 2025

बायलां शांतताय राखपी आदर्श म्हणून काम करतात आनी थळाव्या बायलांक फुडारपणाची भुमिका घेवपाक प्रेरणा दितात अशें केंद्रीय संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हांणी सांगलां. तशेंच थळाव्या समाजा कडेन विस्वास निर्माण करतात, संवाद आनी सहकार्याक सुविधा दितात अशें तांणी सांगलें. आयज नवी दिल्लींत "वीमेन इन पीसकीपिंग: अ ग्लोबल साउथ पर्सपेक्टिव्ह" ह्या विशयाचेर पयलेच खेपे बायलां शांतताय राखपी परिशदेंत मर्ग्दर्शन करतना सेठ haani हीं टिप्पणीं केल्यांत. अणभव वांटपा खातीर, भागीदारी घटमूट करपा खातीर आनी शांतताय राखपाच्या मळार टिकपी परिणाम वाडोवपा खातीर ही परिशद एक म्हत्वाchi maachi म्हूण काम करता अशें tani सांगलें. संघर्श प्रभावित वाठारांनी बायलां आनी भुरग्यांच्यो गरजो भागोवपाची खात्री बायलां शांतताय राखणदार करतात अशें सेठ हांणी उक्तायलें. लिंग आदारीत हिंसाचाराक आळाबंदा हाडपाक आनी प्रतिसाद दिवपाक ते पोसवण दितात आनी जिवंत उरिल्ल्यांक संरक्षण आनी आदार दितात अशें तांणी सांगलें. भारतान ह्या वर्सांनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या शांतताय राखपाच्या कार्यावळींत एक व्हड संचयीक सैन्य योगदान दिलां अशें मंत्रीमंडळान टिप्पणी केली.

---

सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालय GoIStats सयत Innovate नावाचो डेटा-व्हिज्युअलायझेशन हॅकाथॉन सुरू करतले. या हॅकाथॉनची थीम विकसित भारतखातीर डेटा-ड्राइव्हन इनसाइट्स आसा. नॅशनल स्टॅटिस्टिक्स ऑफिस (NSO) वरवी केल्या अफाट अधिकृत आकडेवारीचो उपयोग करून नाविन्यपूर्ण डेटा-चालित अंतर्दृष्टी तयार करपाक विद्यार्थी आणि संशोधकांसारख्या तरुण मनांक प्रेरणा दिवप हे हॅकाथॉनचे उद्दिष्ट आसा. आजपासून 31 मार्च मेरेन MyGov प्लॅटफॉर्मार हॅकाथॉन जातले. पदवी, पदव्युत्तर वा संशोधन करपी विद्यार्थी हातुंत सहभागी जावुंक शकतात. उद्योग आणि शैक्षणिक क्षेत्रातले तज्ञ मूल्यमापन कर्त्यांच्या पॅनेला वरवी वेचलेल्या

अव्वल 30 प्रवेशांक दोन लाख रुपयांचे पयले बक्शीस, उपरांत प्रत्येकी एक लाख रुपयांची दोन दुसरी बक्शीसां, प्रत्येकी पन्नास हजार रुपयांची दोन तिसरे बक्शीस. आणि प्रत्येकी 20 हजार रुपयांची पंचवीस उमेद वाडोवपी बक्षिसे मेळतली

---

भारतातल्या खाजगी क्षेत्रातल्या कंपन्यांनी 2023-24त अधिक नफा कमायला आणि कर्ज कमी केला. ऑपरेटिंग प्रॉफिट मार्जिन तसेच निव्वळ नफ्याच्या मार्जिनात प्रमुख क्षेत्रांत सुधारणा जाल्या तर वर्सभरात त्यांच्या रीणाचो भार कमी जाला . रिझर्व्ह बँक ऑफ इंडियाच्या म्हणण्या प्रमाण, ऑपरेटिंग नफ्यात फाटल्या वर्साच्या 4.2 टक्क्यांवेल्यन 15.3 टक्क्यांनी वाढ जाल्या. मॅन्युफॅक्चरिंग फायदो 13.2 टक्क्यांनी वाढला . करातलो नफा 16.3 टक्क्यांनी वाढला आनी सेवा क्षेत्र उत्पादन क्षेत्रातल्या 7.6 टक्क्यांच्या तुलनेत 38.1 टक्क्यांनी वेगान वाढला. आरबीआयच्या अहवालात अशे म्हणला की सार्वजनिक कंपन्यांची व्याज भरपाची क्षमता लेगीत सुधारल्या, व्याज कव्हरेज प्रमाण 4.1 पर्यंत वाढला. कंपन्यांनी मुख्य करुन अंतर्गत निधीचो वापर केला, ज्यातुन राखीव रक्कम आणि अधिशेष वाढला. रसायन, फार्मास्युटिकल्स, इलेक्ट्रिकल उपकरणा आणि वाहन क्षेत्रातल्या मजबूत वाढीसयत त्यांची स्थिर मालमत्ता 10 टक्क्यांनी वाढली आहे. शेअर बाजारात सूचीबद्ध नासलेल्या प्रायव्हेट लिमिटेड कंपन्यांच्या नफ्यातय जलद वाढ जाल्या. त्यांची कर्ज पातळी स्थिर उरली, बांधकाम आणि उर्जा क्षेत्रा अजूनय उच्च स्तरार आसात पुण काय सुधारणा दर्शयतात.

वैजकीय सुविधांच्या विकेंद्रीकरणाक लागुन व्हड संस्थांवेलो दबाव कमी जातलो: राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आज देशातल्या भलायकी सेवा संस्थांत बर्यो

वैजकीय सुविधांचे विकेंद्रीकरण आणि अधिक संशोधनार भर दिला. पाटणात बापू सभाघरात पाटणा वैजकीय महाविद्यालय आणि रुग्णालयाच्या (पीएमसीएच) शताब्दी सुवाळ्याक राष्ट्रपती संबोधित करताली. लहान शारांत वैजकीय सुविधा उपलब्ध झाल्यार व्हड संस्थांवेलो दबाव कमी जातलो, अशे राष्ट्रपतीन म्हणले. एआय आणि रोबोटिक्सात रोपिंगाचे उदाहरण दीताना ताणी म्हणले की, तंत्रज्ञानाच्या वापरान रुग्णांच्या उपचारात क्षमता आणि अचूकता वाढतली. 5400 पेक्षा चड खाटांचे PMCH जगातले दुसऱ्या क्रमांकाचे हॉस्पिटल म्हणून विकसित जात आशिल्याबद्दल राष्ट्रपतींनी आनंद व्यक्त केलो. गरीब आणि गरजू लोकांच्या सेवेक वैदजकीय क्षेत्रातल्या मंडळींनी काम करचे, अशे आवाहन तिने केले.